**आकाशवाणी पणजी**

**प्रादेशिक खबरा**

**Date :31/01/2026** **7.20 pm**

**मुखेल खबरो**

- **गोंयच्या दरेका बूथाचेर एनडीए आनी भाजपा खातीर उण्यांत उणीं 50 टक्के मतां मेळोवन दिवपाच्या ध्येयान पक्ष कार्यकर्त्यांक तयारी करची असो उलो भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी भाजप कार्यकर्त्यांक मारलो .**
- **नितीन नबीन हांच्या फुडारपण आनी मार्गदर्शनाखाला 2027 ची विधानसभा वेंचणुक भाजपुच जिखतले असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला .**
- **पक्षाखातीर काम करपी कार्यकर्त्यांक भाजप केन्नाच विसरना,योग्य त्या वेळार त्या कार्यकर्त्याक ताच्या कामाची पावती मेळटा अशे भाजपाचे प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक हांणी म्हणला.**
- **तुये हांगाचे सरकारी हॉस्पिटल आनी संशोधन केंद्र जे जीएमसी लिंक केला ताचे 2 फेब्रुवारीक मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी उक्तावण जातले.**

राजनिती ही 100 मीटराची रेस न्ही,राजनिती म्हणल्यार मैरोथोन हांगि speed पेक्षा stamina जाय अशे म्हणीत गोंयच्या दरेका बूथाचेर एनडीए आनी भाजपा खातीर उण्यांत उणीं 50 टक्के मतां मेळोवन दिवपाच्या ध्येयान पक्ष कार्यकर्त्यांक तयारी करची असो उलो भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी आयज भाजप कार्यकर्ता सन्मेलनात कार्यकर्त्यांक मारलो .

भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी सांगलें, गोंयचें दर मनशाचें उत्पन्न 2014 वर्सा ₹1.12 लाख आशिल्लें तें 2023-24 वर्सा सुमार ₹3 लाख जालां, जें राज्यांतल्या नेटान जावपी उदरगतीचें प्रतिबिंब आसा. दोन विमानतळ, विस्तारपी एक्सप्रेसवे, राष्ट्रीय म्हामार्ग, नवे फ्लायओव्हर अशा मुखेल मुळाव्या साधनसुविधांचेर, आनी गोयाता जावपी fdi investmentचेर , तांणी भर दिलो .गोंय राज्य हे केंद्र सरकाराखितीर शुभ राज्य.गोयात निवडुन येल्ले सरकिर केंद्रात लेगीत वेचुन येता अशे आपीण मानता अशे नितीन नबीन हांणी म्हणला . भारतीय जनता पार्टीन ताळगांवा कम्युनिटी हाॅलात आयोजीत केल्ल्या कार्यकर्ता सन्मेलनात उलयताले.

हयावेळार कार्यकर्ते व्हडा आकड्यान हाजीर आशील्ले.

नितीन नबीन हांच्या फुडारपण आनी मार्गदर्शनाखाला 2027 ची विधानसभा वेंचणुक भाजपुच जिखतले असो विस्वास मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी उक्तायला. तशेंच जिल्हो पंचायत वेंचणुकेप्रमाण राज्यात जावपी नगरपालीका आनी पणजेची म्हापालीका वेंचणुक लेगीत भाजपाच जिखतले असो विस्वास

ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान उक्तायलो .कार्यकर्त्यांनी वेंचणीकेच्या प्रचाराच्या कामाक नेटान लागचे अशे आवाहन तांणी ह्यावेळार केला.नितीन नबीन हांची आयची सभा हि 2027 च्यागोंय विधानसभेच्या प्रचाराची सुरूवात अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणला.

पक्षाखातीर काम करपी कार्यकर्त्यांक भाजप केन्नाच विसरना,योग्य त्या वेळार त्या कार्यकर्त्यांक ताच्या कामाची पावती मेळटा.प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हे usbसारखे कार्यकर्त्यांक मार्गदर्शन करून चार्ज करता.हाकि लागुन देशाक राश्टप्रेन आनी उदरगतीचे सरकार मेळ्ळा अशे ह्यावेळार प्रदेशाध्यक्ष दिमोदर नायक हांणी म्हणला.

ह्यावेळार केंद्रीय अक्षय उर्जा राज्य मंत्री श्रीपाद नायक तशेंच राज्यसभेचे खासदार सदानंद शेट तानावडे,तशेंच हेर मंत्री ,आमदार,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

भारत सरकाराच्या शिक्षण मंत्रालयाच्या पालवान नॅशनल बुक ट्रस्टान लोकमान्य भौउद्देशीय सहकारी संस्थेच्या सहकार्यान पणजेच्या बांदोडकर मैदानाचेर 4 फेब्रुवारी 2026 ते 8 फेब्रुवारी 2026 मेरेन गोंय पुस्तक महोत्सव घडोवन हाडला साहित्याची विस्तृत चर्चा, शिक्षणीक साधनां, परस्पर संवादात्मक सत्रां, कथा कथन कार्यावळी आनी कार्यशाळा आयोजीत करून विद्यार्थ्यां मदीं आनी तरणाट्यां मदीं वाचन संवय वाडोवप हो महोत्सवाचो हेत आसा. अशे उपक्रम विद्यार्थ्यांच्या बौध्दिक, सृजनशील आनी समग्र उदरगतीक पोसवण दिवपाक म्हत्वाची भुमिका वठयतात आनी राष्ट्रीय शिक्षण धोरण, 2020 च्या ध्येयां प्रमाण तशेंच शिक्षण मंत्रालयाच्या बॅगलेस डेज उपक्रमाक पालव दितात.

राज्यातल्या सगळ्या सरकारी आनी अनुदानीत माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळातल्या विद्यार्थ्यांनी या महोत्सवाक भेट दिवची अशें शिक्षण संचालनालय जारी केल्ल्या पत्रकात म्हळां.

तुये हांगाचे  सरकारी हॉस्पिटल आनी संशोधन केंद्र जे जीएमसी लिंक केला ताचे 2 फेब्रुवारीक मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी उक्तावण जातले.भलायकी मंत्री श्री. विश्वजीत राणे, आमदार मायकल लोबो, जीत आरोलकार,  प्रवीण अर्लेकर, जिला पंचायत वांगडी  श्रीकृष्ण हरमलकर, सरपंच, अनिता सालगांवकार आनी जीएसआयडीसी लिमिटेडचे वेवस्थापकीय संचालक रोहित कदम ह्या करावालिक हाजीर आसतले. जीएसआयडीसीन बांदिल्ल्या ह्या नव्या हॉस्पिटलाचो खर्च 100 रुपया आसा. नव्या हॉस्पिटल इमारतींत शंबर खाटीं बसपाची तांक आसा.

उत्तर गोंयच्या वाथारातली  भलायकी सेवा घटमूट करपा खातीर सरकारान तुये हांगा नव्यान स्थापन जाल्ली हॉस्पिटल सुविधा बांबोलीच्या गोंय वैजकी म्हाविद्यालयाक संलग्न सुविधा म्हूण जाहीर केल्या. हे नवे सुविधेंत बाह्यरुग्ण सेवा 2 फेब्रुवारी 2026 सावन सुरू जातली आनी गोंय वैजकी म्हाविद्यालय आनी भलायकी सेवा संचालनालयाच्या दोतोरांनी सकयल दिल्ल्या ओपीडीनी सेवां सुरू जातली.

उत्तर गोंयचे जिल्लोधिकारी अंकीत यादव, आयएएस हांणी 21 एप्रील 2026 दिसा शिरगांवांत जावपी वर्सुकी श्री देवी लायराय जात्राची तयारी आनी वेवस्थाचो नियाळ घेतलो. हे बसकेंत पुलीस अधीक्षक हरीश मडकाईकर, अतिरिक्त जिल्हाधिकारी प्रवीण परब, उपविभागीय दंडाधिकारी शुभम नायक, डीवायएसपी सुश्री श्रीदेवी बी.व्ही., आयपीएस, पुलीस, जिल्लो प्रशासन, भलायकी, उजो, भौशीक बांदकाम खातें, वीज खातें, पंचायती, देवळ वेवस्थापन समिती आनी हेर संबंदीत खात्यांचे वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशील्ले .

देवळाक वचपी रस्त्यांचेर गर्दी जावपी जोखीम घटकांचेर भर दिवन आदल्या घडणुकां वयल्यान धडे घेतले. गर्दी वेवस्थापन, सुरक्षा उपाय, मुळाव्या साधनसुविधां खातीर तयारी आनी आंतर विभागीय समन्वय हांचे विशीं हे बस्केत चर्चा जाली. एके वटेन येरादारी वेवस्था चालीक लावप, मुखेल रस्त्यांचेर अतिक्रमण आनी स्टॉल काडून उडोवप, सीसीटीव्हीचेर प्रमाणांत देखरेख दवरप आनी रियल टाईम निरिक्षण करपा खातीर संयुक्त नियंत्रण कक्ष स्थापन करप हांचो आस्पाव जाता.

शिस्त, रांक वेवस्थापन आनी सुरक्षेच्या नेमाचेर भर दिवन धोंड भक्त आनी स्वयंसेवकांची पद्दतशीर जागृताय आनी प्रशिक्षण दिवपाचे निर्देश देवळ समिती कडेन दिल्ले. मान्य केल्ल्या सुरक्षीतताय आनी गर्दी वेवस्थापन येवजणेचें खर पालन करप सक्तीचें आसा हचेर जिल्लो दंडाधिकाऱ्यान भर दिलो .

उपराष्ट्रपती सी पी राधाकृष्णन हांणी आयज हरियाणाच्या सूरजकुंडांत 39व्या सूरजकुंड आंतरराष्ट्रीय हस्तकला मेला 2026चें उक्तावण केलें. श्री राधाकृष्णनान ह्या काऱ्या वेळार मेला साथी ॲपय सुरू केलो.ह्या संदर्भार उलयतना श्री राधाकृष्णन हांणी सांगलें, देशांतले कारागीर शेंकड्यांनी वर्सां पोरन्या गिन्यानाचे राखणदार आसात आनी तांकां सशक्त करप गरजेचें आसा, अशे ताणी मुखर म्हणला . प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दूरदर्शी फुडारपणा खाला भारताचें सांस्कृतीक दायज आनी पारंपारीक हस्तकला क्षेत्र राष्ट्रीय पुनर्जागरणाच्या केंद्र स्थानी आस अशें तांणी सांगलें

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण आयज पणजेत चडात चड

तापमान ३2.2 औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 21 औंश

सेल्सिअस नोंद जाला. तशेच मुरगावात चडात चड तापमान ३1.8

औंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 20.4 औंश सेल्सिअस

नोंद जाला. तशेच फुडले काय दिस राज्यत हवामान सुकें

आसतले अशे वेधशाळेन सांगला .

सरसांगण १९ वर्सा सकयल्या क्रिकेट सर्तींत सागा सम्शेर्स पान्दन वस्तव्पण जोडले